06.02.2025 @ 7.20 pm

आकाशवाणी पणजीच्या

मुखेल खबरो

गोयचे दोन दिसांचे शियाळी अधिवेशन आज सुरु जाले. तातूंत राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांचे अभिभाषण जाले

प्रयागराज हांगा जावपी महाकुंभ मेळाव्याक हाजेरी लावपाक घेवन गेल्ल्या १३०० भाविकांचे रेल गाडयेक आयज सकाळी समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी निरोप दिलो.

प्रयागराज वचपी रेलगाडयें मागणी वाडली जाल्यार आनीक ट्रेनी सुरु करतले, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. फुकट गॅस सिलिंडर कनेक्शन दिवपी प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजणेचो सुमार २ हजार गोंयकारांनी लाव घेतलो अशी माहिती पेट्रोलियम आनी प्रकृतीक गॅस मंत्री हरदीप पुरी हांणी दिली.

7 आनी 8 फेब्रुवारीक कला अकादेमींत 'सुर जहान संगीत' महोत्सव

कला आनी सांस्कृती खात्यान 7 आनी 8 फेब्रुवारीक सुर जहान संगीत महोत्सव घडोवन हाडला.

राज्यपाल 330

गोयचे दोन दिसांचे शियाळी अधिवेशन आज सुरु जाले. तातूंत राज्यपाल पी एस श्रीधरन पिल्लई हांचे अभिभाषण जाले. खाजगी जमनीचेर आशिल्ल्या बेवारस लोहखनिजाच्या ई-लिलावातन लिलावांतल्यान राज्य सरकाराक व्हड प्रमाणांत येणावळ मेळटली अशी आस्त आसा अशें श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें. सभागृह सुरू जाताच, विरोधी पक्षाचे सदस्य उभे रावले आणि म्हणले की अधिवेशन चड काळ चालुंक जाय आशिल्ले .सभाघरांत शिश्टाचार तिगोवन दवरपाचें आवाहन सभापती रमेश तवडकार हांणी केला. थोड्याशा निषेधावेळा उपरांत विरोधक वांगड्यांनी आपली सुवात घेतली, उपरांत राज्यपालान सभाघरांक संबोधित केलें, "राज्यांतल्या वेगवेगळ्या खाजगी सुवातींनी डंपांच्या रुपांत पडून आशिल्ल्या दावो नाशिल्ल्या लोखण धातुकाची ई-लिलाव करपाची परवानगी दिवपी सुदारीत गोंय लोखण धातुक डंप हाताळणी धोरण, 2023 सरकारान मान्य केल्या इकरा खण ब्लॉक लिलाव जाल्यात, तातूंतले दोन खणींनी काम करपाक सुरवात केल्या. फुडल्या दोन म्हयन्यांत आनीक दोन-तीन खणी सुरू जातली. सुमार 5.2 कोटी टन मोलाचे अठरा उण्या दर्जाचे खण डंप लिलावा खातीर दवरल्यात, जाका लागून राज्याक व्हड प्रमाणांत येणावळ मेळटली. आनी प्रत्यक्ष आनी अप्रत्यक्ष रोजगार निर्माण जातलो अशें तांणी सांगलें.

तशेंच मंडोवी आनी ज़ुआरी न्हंयांनी रेंव मॅपिंग तयार करपा खातीर अर्ज मागयल्यात अशें तांणी सांगलें, "पर्यावरण मंजुरी मेळ्ळ्या उपरांत

12 झोनांनी रेंव खणपाचे परवाने जारी करतले," अशें राज्यपालांनी सांगलें

ह्याच काळांत मधमाशी पोसपा खातीर प्रोत्साहन येवजणे खाला 60 मधमाशी पेटी खातीर 29 प्रस्ताव मान्य केल्यात अशें तांणी सांगलें,

एक दिसाचे सेशन दोन दिसांचे सेशन अशे जायना. कॅबिनेटाचो सल्लो घेवन राज्यपाल सेशन अपयतात. विरोधी पक्षान लोकांचे प्रस्न मांडप आनी सरकारान ताजी जाप दिवप. सरकाराक जाप दिवपाची ना म्हुणुन सरकारान एका दिसाचे सेशन अपयला असो आरोप फुडारी विजय सरदेसाय हाणी केला. लोकशायेची हत्या जाल्या आनी ताजो विरोध आनी निषेध करपाक आपुण काळे कपडे घाल्या अशे ताणी मुखार सांगले.

उपरांत विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी गोंयात नोकरभरती,म्हादय,गुन्ह्याव,मीन वेवसाय ,भ्रश्टाचार ह्यारखे विशय सध्या गाजतात ,ताका लागुन चड दीसाचे अधीवेशनाची गरज आसुन लेगीत फकत दोन दीसाचे अधिवेशन आपवोप चुकीचे अशे पत्रकार परीशद घेवन म्हणला.जाल्यार नोकरभरती ,जमीन घोटाळे विशय ह्या अधीवेशनात मेळचे ना,लोकशायेत लोकांचे प्रस्न मांडुंक मेळना अशा अधिवेशनाक कायच महत्व ना अशे म्हणला.

आपुण लोकां वांगडा आसा लोकांखातीर आसा, आनी एक विरोधी पक्षातलो आमदार जे कितें करुंक शकता तें हांव करत आसा अशे फुडारी विजय सरदेसाय हाणी सांगले

Sushant 85

प्रयागराज हांगा जावपी महाकुंभ मेळाव्याक हाजेरी लावपाक घेवन गेल्ल्या १३०० भाविकांचे रेल गाडयेक आयज सकाळी समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी निरोप दिलो. ह्यावेळार मडगावचे आमदार दिगंबर कामत, मुरगावचे आमदार संकल्प आमोणकार, भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष आनी आदले आमदार दामोदर नायक तसेच पणजीचे आदले आमदार सिद्धार्थ कुंकळयेकार हे हाजीर आशिल्ले.

मंत्री फळदेसाई हांणी ह्यावेळार यात्रेक वचपी भाविकांकडेन संपर्क सादला. ८ फेब्रुवारीक ही गाडी प्रयागराज हांगा पावतली आनी ९ फेब्रुवारी ती परत गोंयां येवपाक भायर सरतली अशें तांणी ह्यावेळार सांगले. यात्रेक वचपी भाविकांमदी एक खोशयेचे वातावरण पातळिल्ले ह्यावेळार दिसताले.

Ganesh 140

गोंयांत सनातन धर्माचो विस्तार जावन गोंयची वळख फक्त दर्या मेरेन उरूंकना जाल्यार अध्यात्मा खातीर गोंयची वळख तयार जाल्या. प्रयागराज वचपी रेलगाडयें मागणी वाडली जाल्यार आनीक ट्रेनी सुरु करतले, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. मुखेलमंत्री देवदर्शन येवजणे अंतर्गत गोंया सावन प्रयागराज महाकुंभ वचपी विशेष रेलगाडयेक करमळे रेल्वे स्टेशनार डॉ. सावंत हांणी पांचवो बावटो दाखयलो. 128 वर्सा उपरांत आयिल्ल्या कुंभ मेळ्याक वचपाची संद सामान्य गोंयकारांक मेळची होच हेत दवरून गोंय

सरकारान तीन रेलगाडयो प्रयागराज सोडल्यात. सुमार 1200 लोक पयलें रेलगाडयेंतल्यान महाकुंभात पवित्र स्नान करपा खातीर गेल्यात. फुडें अशींच रेलगाडी 13 आनी 21 फेब्रुवारींक सुट्टली. लोकांचो उत्साह आनीक वाडलो जाल्यार आनीक दोन रेलगाडयो सोडपाची सरकाराची इत्सा आसा, अशीं म्हायती मुखेलमंत्र्यांनी दिली. गोंयाक दक्षीण काशी म्हूण वळखतात. सनातन संस्कृती लोक व्हड प्रमाणात आपणाक लागल्यात, ते सनातनी उत्सवांनी वांटेकारुय जातात. पयलीं 'सन, सँड ॲण्ड सी' ही गोंयची वळख आशिल्ली, आतां गोंयाक अध्यात्मा खातीर वळखतात अशें मत मुखेलमंत्र्यानी मांडले.

Subhash 120

फुकट गॅस सिलिंडर कनेक्शन दिवपी प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजणेचो सुमार २ हजार गोंयकारांनी लाव घेतलो अशी माहिती पेट्रोलियम आनी प्रकृतीक गॅस मंत्री हरदीप पुरी हांणी दिली. राज्यसभेतल्या एका लेखी प्रसनाक जाप दितना तांणी ही माहिती दिली. ह्या येवजणे खाला नवी गॅस सिलिंडर जोडणी घेवपा सरकार दर लाभार्थ्यांक १ हजार ते २ हजार मेरेन अनुदान दितां. तशेंच हे सिलिंडर भरपाखातीर रु. ३०० इतलें अनुदान मेळटा, अशी म्हायती पेट्रोलियम आनी प्राकृतीक गॅस मंत्रालयान दिल्या. गरीब घराब्यांतल्या बायलांक डिपोजीट भरिनासतान फुकट गॅस सिलिंडर जोडणी दिवपाच्या हेतान प्रधानमंत्री उज्वला येवजण मे २०१६ त चालीक लागिल्ली. जानेवारी २०२५ मेरेन देशभरात १० कोटी ३३ लाख लोकांनी उज्ज्वला योजणेचो लाव घेतला आनी तातुंतले १,९५५ गरजु गोंयकार बायलांक हे येवजणे खाला फुकट सिलिंडर जोडणी आनी सिलिंडर भरपाचेर अनुदान मेळटा.

Ganesh 170

7 आनी 8 फेब्रुवारीक कला अकादेमींत 'सुर जहान संगीत' महोत्सव

कला आनी सांस्कृती खात्यान 7 आनी 8 फेब्रुवारीक सुर जहान संगीत महोत्सव घडोवन हाडला. कला अकादेमींत जावपी ह्या महोत्सवांत थळावे, देशी आनी विदेशी कलाकार आपली कला सादर करतले अशें कला आनी सांस्कृतीक मंत्री गोविंद गावडे हांणी सांगलें. बिरेस्तारा पणजेंत जाल्ले पत्रकार परिशदेंत ते उलयताले. ह्या वेळार खात्याचे संचालक सगुण वेळीप आनी अमिताव भट्टाचार्य हाजीर आशिल्ले. मंत्री गावडे हांणी सांगलें, 7 फेब्रुवारीक सकाळीं 10.30 ते दनपारां 1 वरां मेरेन अंब्रेला एनसेंबल आनी अल मोलर ह्या संगीत बँडांतले कलाकार संगीताचेर कार्यशाळा घेतलें. सांजवेळा 6 वरांचेर कार्यावळीचें उक्तावण जातलें. उक्तावण सुवाळ्याक मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हाजीर आसतले. ताचे उपरांत कार्लोस गोन्साल्वीस हांचे घुमट वादन सादरीकरण जातलें. ताचे उपरांत फोकर बँड (हंगेरी), फोककॉर्न (नेदरलँड) आनी हबीब खान (राजस्थान) हांची कार्यावळ जातली. 8 फेब्रुवारीक सकाळीं 10.30 ते सकाळीं 1 वरां मेरेन फोकर बँड आनी फोककॉर्न ह्या बँडांतले कलाकार कार्यशाळा घेतलें. सांजवेळा 6 वरांचेर सोनिया शिरसाट हांची कार्यावळ जातली. ताचे उपरांत अंब्रेला एनसेंबल (आयसलँड) आनी अल मोलर (स्वीडन) हांचे सादरीकरण जातलें. हाचे उपरांत कार्यावळीचो समारोप सुवाळो जातलो.

Rajashri 135

ब्लू इकॉनॉमी' मुखार व्हरपाक राज्य सरकार कटिबद्ध आसा. ताका लागुन राष्ट्रीय समुद्र विज्ञान संस्थेच्या संशोधन उपक्रमांक राज्याचे

पुराय फाटबळ मेळटले. केंद्र सरकारनय याखातीर आवश्यक आर्थिक तरतुदी केल्यात, अशे मुख्यमंत्री प्रमोद सावंत हाणी म्हणले प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या 'विकसीत भारत 2047' ह्या दृश्टीकोनांत शास्त्रज्ञांची म्हत्वाची भुमिका आसा दर्या संशोधन हें सगळ्यांत म्हत्वाचें संशोधन, देशांतल्या 80 संस्थांचे 600 परस चड शास्त्रज्ञ एकठांय येवन देशाची उदरगत जातली हातूंत दुबाव ना.

अशें तांणी फुडें सांगलें. नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ ओशनोग्राफीन आयोजीत केल्ल्या ओशन सोसायटी ऑफ इंडियाच्या धाव्या राष्ट्रीय परिशदेच्या 'ओसिकॉन 25' च्या उक्तावण सुवाळ्यांत मुख्यमंत्री उलयताले. ह्या राश्ट्रीय परिशदेंतल्या परिसंवादांत हवामान बदलाचो परिणाम हाचेर खोलायेन चर्चा जातली आनी दर्या विज्ञान आनी संशोधनाचेर मार्गदर्शन मेळटलें. ऑसिकॉन 25 परिशदेंत पर्यावरण, दर्या संशोधन, हवामान बदल हांचे संबंदी म्हत्वाचे निर्णय घेतले अशें आयोजकांनी सांगलें.

Rajashri 130

रेल्वे स्थानकात धूम्रपान आनी थुंकप म्हारक पडूंक शकता. रेल्वे पोलिसांची त्याकडे बारीक नजर आसता. अशां लोकांक धरुन दंड आकारतात. कोकण रेल्वे पोलिसांनी अशी तब्बल २,४४४ प्रकरणा नोंदयल्या आनी२ लाख ४४ हजार ४०० रुपये दंड वसूल करून घेतला.

कायद्यान भौशिक सुवातांनी धूम्रपान तशेच थुंकपाक मनाय आसा. मात, या कायद्याचे सर्रास उल्लंघन करतात. हातुंत स्वतःक सुशिक्षित

म्हणवून घेवप्यांचचय समावेश आसता. पोलिस कारवाई जातली हे खबर आसुनुय त्याचेकडे दुर्लक्ष करतात. धूम्रपान तसेच थुंकपाक मनाय आसा. त्याबाबतचे रेल्वे स्थानकार तशेच रेल्वेत सूचना फलकय आसतात. इतले असूनय कायजाण कायदो मोडपाचे धाटसाण करतात आनी ते त्यांच्या अंगलट येता. रेल्वे स्थानकार पोलिसांची गस्त असता, ते अशा लोकांना धरतात आनी उपरांत त्यांच्याकडसान दंड आकारतात. कायदो कोणी मोडू नये, आमची अशा लोकांर नजर आसता आनी कायद्याप्रमाण कारवाय जाता, अशी माहिती कोकण रेल्वे पोलिस ठाण्याचे पोलिस निरीक्षक सुनील गुडलर हांणी दिली.

Rajashri 130

भारतीय जनता पक्षाच्या नव्या सुरू आशिल्या 'भाजप भवन' इमारतीच्या बांधकामाची पळोवणी मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आनी हेर फुडार्यानी केली. कदंब पठारावेल्य पोरणे गोय बगल रस्त्याकडे सुरू आशिल्या या भाजपच्या भव्य इमारतीचे काम ह्या वर्षअखेरीक पूराय जातले, अशी माहिती मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी दिली. मुख्यमंत्री सावंत हांच्या वांगडा भाजपचे प्रदेशाध्यक्ष दामू नाईक, खजिनदार संजीव देसाई, माजी आमदार तशेच पक्षाच्या आयटी विभागाचे निमंत्रक सिद्धार्थ कुंकळ्येकर उपस्थित आशिल्ले. मुख्यमंत्री सावंत हांणा सांगले की, कदंब पठारार २ हजार ९०० चौखण मीटर जागेत भाजपच्या भव्य कार्यालयाखातीर इमारतीचे बांधकाम सुरू आसा. ६०० आसन क्षमतेचो हॉल आनी हेर व्यवस्था या इमारतीत आसून, आधुनिक सुविधांनी सुसज्ज अशे हे भवन जातले. हातुंत प्रदेशाध्यक्षांखातीर स्वतंत्र केबिन, हॉल, कॅन्टीन आनी रातची निवासाचीय व्यवस्था आसा. प्रदेशाध्यक्ष, सरचिटणीस हांच्याखातीर स्वतंत्र दालना, व्हड कॉन्फरन्स

हॉल, कार्यकर्त्यांच्यो बसका घेवपाक सभागृह, व्हर्चुअलमीटिंग करपाक सुसज्ज यंत्रणा आसतली

Rajashri 85

माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष भगिरथ शेट्ये हांका सरकारन आनीक ४ वर्षांची मुजतवाढ दिल्या. त्यांच्या अध्यक्षपदाची मुजत ८ फेब्रुवारीक सोपताली. मंडळाची मुजत येत्या एप्रिलात सोपता. त्या उपरांत मंडळाची फेररचना करतले. राज्यात सध्या नवे शैक्षणिक धोरण राबोवपाक सरकारन बरीच तयारी केल्या. शिक्षण सचिव प्रसाद लोलयेकर, शिक्षण संचालक शैलेश झिंगडे, गोवा शिक्षण संशोधन आनी प्रशिक्षण परिषदेची संचालक मेघना शेटगावकर आणि शेट्ये हांचेर ती प्रामुख्यान जबाबदारी दिल्या. गोवा शिक्षण मंडळाचे अध्यक्ष या नात्यान नववीपासून मंडळाची परीक्षा सुरळीतपणान अंदु सावन तांणी सुरू केल्या. शेट्ये हे आदी मंडळाचे सचिव आशिल्ले.

आनी आता खबरो सोपोवचे पयली काय मुखेल खबरो

आनी ईतल्यान ह्यो प्रादेशिक खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजीच्या खबर विभागाचे मुखावेले प्रादेशिक खबरापत्र तुमका आयकूंक मेळटलें फालया सकाळी सात वरा पंचवीस मिनटांचेर. नमस्कार